# G20 शिखर परिशदेचो कार्यक्रम गोंयांत आयोजीत करतले: मुख्यमंत्री

ता. २ मे २०२२

G20 शिखर परिशदेचो एक कार्यक्रम गोंय राज्यांत आयोजीत करपाक प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी सहमती दाखयल्या, अशी म्हायती मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली. मुख्यमंत्री आयज पर्वरे सचिवालयातल्या सेमिनार हॉलात आयोजीत कार्यक्रमात पर्यटन मंत्री श्री. रोहन खंवटे, गोंय पर्यटन विकास महामंडळाचे अध्यक्ष डॉ. गणेश गावकर, मुख्य सचीव श्री. पुनीतकुमार गोयल आनी पर्यटन सचीव श्री. रवी धवन हांचे उपस्थितीत गोंय पर्यटन वेपार नोंदणी कायद्याखाला www.goaonline.gov.in आनी www.goatourism.gov.in ह्या ऑनलाइन सेवेचो शुभारंभ केल्या उपरांत उलयताले.

फुडें उलयतांना डॉ. सावंत हांणी राज्यांतल्या पर्यटन उद्देगाकडेन संबंदीत सगळ्या वेवसायिकांक ऑनलाइन व्यासपीठाचेर येवपाचे आवाहन करून, गोंय हे देशातले मुख्य पर्यटन स्थळ करपाच्या दृश्टीन एक म्हत्वाचे पावल आसा. फकत हॉटेल इंडस्ट्रीच न्हय जाल्यार साहसी खेळ, उदका खेळ, हिंटरलॅण्ड पर्यटन तशेंच पर्यटक मार्गदर्शकांचीय ऑनलाइन सेवा आसपाक जाय, जेणे करून तांचो वेवसाय अधिकृतपणान सरकाराकडेन नोंदणीकृत जातलो आनी दुसरे म्हळ्यार सरकार तांच्या वेवसायाची स्वतःच्या वेबसायटीचेर जायरात करतले, जाचो फायदो तांकां आपल्या वेवसायचे मार्केटींग करपाक मदत जातली. सगळें कित्ये करप हे फकत सरकाराचेच काम न्हय तर उद्देग क्षेत्रातल्या संबंदीतांनीय सरकाराच्या प्रयत्नांक सहकार्य करपाक जाय, अशें तांणी म्हणलें.

श्री.सावंत हांणी फुडें म्हणले, सेवा ऑनलाईन उपलब्ध करून दिवप हे वेवसाय सुलभ आनी सोपो करपाच्या दिकेने एक बरें पावल आसा. पर्यटकांक गोंयच्या पर्यटन उद्देगातल्या प्रत्येक वेवसायिकाची आनी तांच्या सेवेची सगळीं म्हायती मेळटली. बेकायदेशीर पर्यटन वेवसायाक परवानगी आसची ना. संबंदीत यंत्रणांची पर्यटन वेवसायांचेर बारीक लक्ष आसतलें.

मोपा विमानतळ फुडल्या १५ ऑगस्टाक सुरू जातलो. शेनवार आनी आयताराच्या दिसा पर्यटकांच्या सोयीखातीर सरकार भौशीक येरादारी वेवस्था सुरू करपाचो विचार करता. गोंयांत अशीं अनेक पर्यटन स्थळां आसात, जांचो विकास जावपाची गरज आसा. पावसाळी पर्यटनाक चालना दिवपाची गरज आसा. विदेशी

पर्यटकांक आकर्शीत करपाखातीर कार्यक्रमांचे आयोजन करपाक हॉटेल उद्देगांनी सरकारा वांगडा येवपाची गरज आसा. राज्यांत पर्यटन उद्देगाच्या वाडीखातीर सरकार गरजेच्यो सुविधा निर्माण करता, पुण त्यो सांबाळून दवरपाची जबाबदारी प्रत्येक व्यक्तीची आनी पर्यटन वेवसायिकांची आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

पर्यटन मंत्री श्री. रोहन खंवटे हांणी सरकार वेवसाय करपाक आवश्यक सोपेपणां उपलब्ध करून दिवपाकडेन खास लक्ष दिता आनी ऑनलाइन सेवासुविधांक लागून पर्यटन उद्देगाच्यो अडचणीं सुटाव्यो जावपाक मदत जातली, अशें सांगलें. सरकारन "ट्रस्ट अवर गोंयकार" ही संकल्पना फुडें हाडल्या, जे वरवीं ऑनलाइन प्रक्रिया जातली. गोंयांक देशाची पर्यटन राजधानी करपाखातीर हॉटेल उद्देगांनी सरकाराक सहकार्य करपाचोय उलो तांणी मारलो.

सचीव श्री. रवी धवन हांणी पर्यटक आनी पर्यटन वेवसायिकांच्या सोयिखातीर ऑनलाइन सेवा आवश्यक आशिल्ल्याचे सांगलें.

पर्यटन संचालक श्री मेनिनो डिसोझा मानेस्तांक येवकार दिलो. गोवा इलेक्ट्रॉनिक्स ली. चे वेवस्थापक श्री मयूर पेडणेकर हांणी ऑनलाइन सेवेची म्हायती दिली. GTDC चे वेवस्थापकीय संचालक श्री. निखिल देसाय आनी पर्यटन उद्देगांचे प्रतिनिधी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/315

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji